# <u>मधुमेह दुयेंसाविशी भोवकेंद्रीत अभ्यास</u>

ता. 15 जानेवारी 2019
25 पौष 1940

देशातल्या मधुमेह दुयेंसाविशी अचूक म्हायती मेळोवपाखातीर आयसीएमआर संस्थेन चैन्नईच्या मद्रास डायबेटीस रिसर्च फाऊंडेशनाच्या सहकार्यान भोवकेंद्रीत अभ्यासाक सुरवात केल्या.  गोंय राज्यातल्या मधुमेह दुयेंसाच्या परिस्थितीचो अभ्यास गोंय सरकारच्या मान्यतायेन डॉ. अंकुश देसाय कंसल्टंट इन्डोक्रिनोलॉजिस्ट (मुख्य तपास अधिकारी) आनी डॉ. अमित डायस, (प्रिव्हेंटीव्ह अँण्ड सोशल मेडिसीन विभाग) हांच्या फुडारपणाखाला गोंय वैजकीय महाविद्यालयावतीन करपात येतलो.

गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे निरीक्षण मंडळ आनी भलायकी सेवा संचालनालयान निवड केल्ले प्रतिनिधी घराघरांनी भेट दिवन म्हायती एकटाय करतात.  अशा प्रतिनिधीक अधिकृत वळखपत्र जारी केल्ले आसा.  गोंयच्या लोकांनी प्रतिनिधीच्या पंगडाक सहकार्य करून हो अभ्यास पूर्ण करपाक सहकार्य करचे. हया अभ्यासाक डिसेंबर 2018 सावन सुरवात जाल्या आनी स म्हयन्याभितर तो पूर्ण करतले.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/39